**<u>राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक गुडी  पाडव्याची परबीं</u>**

ता. 1 एप्रिल  2022

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गुडी पाडव्याच्या शुभ प्रसंगार गोंयच्या लोकांक काळजासावन   उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

गुडी पाडव्याचो सण हो नव्या वर्साच्या शुभारंभाचो दीस, जो आमी उमेद आनी मौजमजेन मनयतात.  आमच्या देशाक अनेक सण-उत्सवांचे समृध्द दायज लाभिल्ले आसा आनी ह्या उत्सवांची स्वताची विशिश्ट वळख आसा. हे सण-उत्सव आमच्या राष्ट्राचे समाजीक नाते मजबूत करतना विविधतायेत एकजूट ह्या तत्वाविशींची आमची वचनबद्दताय आनीक घट करता.

ह्या वर्सा आमी गुडी पाडव्याचो  उत्सव सुरक्षा शिश्टाचारांक पाळो दिवन मनोवया.  ह्या प्रसंगार आमी समाजीक सलोखो मजबूत करपा खातीर यत्न करूया. ह्या वर्सा गुडी पाडव्याचो सण प्रत्येकाच्या जीणेत चड शांतीकाय, समृध्दी आनी खुशालकाय घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/216

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji